आकाशवाणी पणजीच्या

प्रादेशिक खबरा विभागावरवीं

Panaji National 14 July 2026 6:30 pm

Bharat tax 85

भारत टेक्स 2026 ही भारताची सगळयांत व्हडली संवसारीक टेक्सटाइल कार्यावळ आयज नवी दिल्लीच्या भारत मंडपमांत सुरू जाली. केंद्रीय टेक्सटाइ मंत्री गिरीराज सिंह हाणी आयज ह्या कार्यावळीचें उक्तावण केलें. प्रधानमंत्र्यांच्या दृश्टिकोनातल्यान आयल्ली भारत टेक्स ही आंतरराश्ट्रीय कार्यावळ, या कार्यावळींत दर वर्सा प्रदर्शक, खरेदीदार, विक्रेते आनी भोंवडेकार हांची संख्या वाडत आसा. MSME आनी उद्देजक लेगीत भारत टेक्सांत वांटो घेतात अशें प्रसार माध्यमांकडेन उलयतना मंत्री गिरीराज सिंग हाणी सांगलें.

वस्त्रोद्योग क्षेत्राक वेगवेगळया देशांकडेन मुक्त वेपार कबलातीचो फायदो जाता अशे केंद्रीय टेक्सटाइ मंत्री गिरीराज सिंह हाणी फुडे म्हणले.

Ext. Aff. Min. 52

एम. टी. अल बहिया आनी एम. टी. मोम्बासा ह्या दोन तारवांचेर आयज होरमुझ सामुद्रधुनींतल्यान वयतना जाल्ल्या हल्ल्यांचेर भारतान हुस्को उक्तायला. नवी दिल्लींतल्या इराणी दूतावासाच्या उपप्रमुखाच्या मिशनाक आयज सकाळीं विदेश मंत्रालयान अपोवन ताचे कडेन ह्या हल्ल्यांचो खर निशेध केला. दोनूय जहाजांनी 30 भारतीय दर्यावेल्यान वचपी लोक आशिल्ले, तातूंत एकूण शेचाळीस खलाश्यांचो आस्पाव आशिल्लो.

ASH 80

भूंय संपादनाच्या पुराय प्रक्रियेचे वेवस्थापन करपा खातीर रेल्वे भूमी पोर्टल सुरू करतले अशी म्हायती केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी आयज दिली. आतां कंटेनरांत रासायनीक सात्र्याची येरादारी करूं येता, वीज प्रकल्पांत तयार जावपी फ्लाय ऐश आतां कंटेनरांत व्हरतले, जाका लागून ताचो बारीक धुल्ल पर्यावरणाक दुशीत करूंक शकचो ना अशें वैष्णव हाणी म्हणला.

भारतीय रेल्वेचें आधुनीकरण करपाच्या उद्देशान केल्ल्या सुदारणां विशीं नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांकांक म्हायती दितना, आपल्या मंत्रालयान निर्माण क्षेत्रा सयत जायत्यो सुदारणां केल्यात अशें अश्विनी वैष्णव हाणी सांगलें.

AI 54

भारतांतलें पयलें सरकार संचलित कृत्रीम बुध्दीमत्ते चें म्हळयार (ए. आय.) विद्यापीठ राज्यांत येतलें अशें कर्नाटकाचे मुखेलमंत्री डी. के. शिवकुमार हाणी सांगले. बेंगळूरांत गूगल कनेक्ट इंडिया 2026 चे उक्तावण करतना ते उलयताले. स्टार्ट-अप, कंपनी आनी हेरां वरवीं ए. आय. त संशोधन आनी विकास करपा खातीर सरकार ए. आय. हब स्थापन करतलें अशें ताणी जाहीर केला.

खेळ 34

फिफा विश्वचषकांत क्वार्टर फायनलींत मोरक्कोक हारावन फ्रांस सेमी फायनलींत पावला. आयज रातीं अमेरिकेंतल्या टेक्सासांतल्या डॅलस स्टेडियमांत पयल्या उपांत्य सर्तीत फ्रांस स्पेना आड खेळटलो. ही सर्त भारतीय वेळा प्रमाण आयज राती 12:30 वरांचेर सुरू जातली.

हवामान 92

भारतीय हवामान खात्यान आयज बिहार आनी ओडिशांत व्हड प्रमाणात पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. फाल्यां मेरेन ईशान्य भारत, छत्तीसगड, झारखंड आनी अस्तंत बंगालांतय अशीच परिस्थिती निर्माण जावपाची शक्यताय आसा. ह्या म्हयन्याचे 19 तारखे मेरेन हरियाणा चंडीगढ, दिल्ली, पंजाब आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशांतय हलको पावस पडपाचो अदमास आसा. फुडल्या दोन ते तीन दिसांनी अंदमान आनी निकोबार, आंध्र प्रदेश आनी जम्मू-काश्मीर, लडाख, बिहार, झारखंड, कर्नाटक आनी ओडिशांत वीज आनी वादळी वाऱ्यां वांगडा वादळ येवपाची शक्यताय आसा. मजगतीं, फाल्यां मेरेन दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेश, तमिळनाडू, ओडिशा पुद्दुचेरींत उश्णताय पातळपाची शक्यताय आसा असो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आमचे फुडले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले – फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर.